# गोंय विधिमंडळान विधिकार दीस मनयलो

ता. 9 जानेवारी 2023

म्हादय प्रश्नाचेर विधानसभेत चर्चा जावपाची गरज आसा. म्हादय प्रश्नाबाबतीत गोंयच्या लोकांमदी निर्माण जाल्ल्या हुस्क्याची सरकाराक जाणीव आसा. गोंय सरकारान म्हादय प्रश्नाचेर आवश्यक पावलां उबारिल्ली आसून सरकार गोंय आनी कर्नाटकाखातीर उदका वेवस्थापन यंत्रणां स्थापन करपाची मागणी केंद्र सरकाराकडेन करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज गोंय विधिमंडळान विधिकार दिसानिमतान सचिवालयात आयोजीत कार्यक्रमात उलयताले.

विधीकार मंचान विधानसभाध्यक्षांच्या सहकार्यान विद्‌यार्थी संसदेसारखे कार्यक्रम आयोजीत करचे जेणे करून लोकशाहीची पाळामुळां घट्‌ट जावपाक मदत जातली. आमी सगळ्यांनी राज्याच्या हिताच्या प्रस्नांचेर एकटाय येवपाक जाय, अशेंय तांणी म्हणलें. गोंय विधानसभेचे कामकाज पेपरलेस जाल्ले आसून ते फुडें चालू दवरपाची गरज आसा. अभिव्यक्ती स्वातंत्र्य हे प्रत्येक नागरीकाचो हक्क आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान म्हणलें.

विधिकार दिसाक मुखेल सोयरे म्हूण हिमाचल प्रदेशचे राज्यपाल श्री राजेंद्र आर्लेकर उपस्थित आशिल्लें. तांणी आपल्या भाशणात, एक बरो राजकारणी जावपाखातीर एक बरो मनीस आसपाची गरज उक्तायली. एक बरो मनीस लोकांच्या प्रगतीखातीर आनी कल्याणाखातीर प्रयत्नशील आसता. वेंचून आयिल्ल्या प्रतिनिधींनी लोकांच्या समस्यांकडेन लक्ष दिवपाक जाय. तशेंच लोकांचे प्रस्न सभागृहात मांडपाक जाय, अशें सांगलें.

पाचव्या विधानसभेचेर आमदार म्हूण वेंचून आयिल्ले श्री लुइझिन्हो फालेरो, श्री मायकल फर्नांडिस, श्री हर्कुलान दोरादो आनी हेरांचो ह्या वेळार सत्कार केलो.

गोंयचे आदले मंत्री आनी हिमाचल प्रदेशचे राज्यपाल श्री राजेंद्र आर्लेकर हांचो ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं सत्कार केलो.

कार्यक्रमात उपसभापती श्री जोशुआ डिसोझा आनी विरोधी पक्षफुडारी श्री युरी आलेमाव हांचेय भाशण जालें.

आदले आमदार सर्गेस्त तिओतिन्हो परेरा, ॲलेक्स कार्दोझ, पांडुरंग राऊत हांकां ह्या वेळार श्रद्धांजली ओपली.

भौशीक बांधकाम मंत्री श्री नीलेश काब्राल, मंचाचे उपाध्यक्ष श्री व्हिक्टर गोन्साल्विस, विधिमंडळ विभागाच्यो सचिव श्रीमती नम्रता उलमन. या कार्यक्रमाला आदले हेर मंत्री, आमदार आनी विद्‌यमान आमदार कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री रमेश तवडकर हांणी विधिकार दीस कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल्या सगळ्यांक येवकार दिलो.

आदले आमदार ॲड. सदानंद मळीक हांणी मंचाचो वर्सुकीं अहवाल वाचलो. मांडला. आदले आमदार मोहन आमशेकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/44

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.